<u>आकाशवाणी पणजीच्या</u>

<u>राष्ट्रीय  खबरो</u>

Date : 12/03/2026 6.30PM

50

विदेश मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी आयज सांगलें, फाटल्या कांय दिसांनी विदेश डॉ. एस. जयशंकर  आनी इराणचे विदेश मंत्री सय्यद अब्बास अरघची वांगडा तीन फावती भासाभास केली . भारताच्या जहाज येरादारी आनी उर्जा सुरक्षा संबंदीत प्रस्नांचेर दोनूय फुडाऱ्यां मदीं चर्चा जाल्ली अशें ताणी सांगलें. आयज नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना ताणी सांगलें

५५

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी शेती मळार खास करून कृषी-अन्न  प्रणालींत बायलांच्या नेतृत्वाक उर्बा दिवप म्हत्वाचें अशें म्हणला. कृषी-अन्न  प्रणालींत बायलांचे भुमिके विशीं जागतीक परिशदेचें ताणी आयज नवी दिल्लींत उक्तावण केलें. भारतान बायलांच्या फुडारपणा खाला उदरगतीचे धोरण स्वीकारला. सगळ्या पांवड्यार बायलांचो चड वांटो आसल्यार लैंगिक समानताय तिगोवन दवरून शेती उदरगतीक चालना मेळटली अशें ताणी सांगलें.

४५

शेतकी क्षेत्रांत धोरण तयार करप, निर्णय घेवप आनी बायलांक सशक्त करपाची गरजेचेर तांणी भर दिलो.

देशांतल्या शेतकी मळार बायलां म्हत्वाचे योगदान दितात अशे  कृषी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलें.  आयसीएआर धोरण प्रभावीपणान चालीक लावपा खातीर बेगीनूच मंच सुरू करतले अशी म्हायती तांणी दिली.

75

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सावन दोन दिसांच्या आसामाचे भोंवडेर आसतले. हे भेटी वेळार ते जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी काय  प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर बसयतले आनी बुन्याद घालतले. फाल्यां दनपारां प्रधानमंत्री कोक्राझारांत काय उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण आनी लोकार्पण करतले. उपरांत ते  मोदी बोडो प्रादेशिक वाठारांत रेल्वे दुरुस्ती कारखानो आनी स पुलांचो बुन्यादि फातर बसयतले आनी तीन नवयो

रेल्वे सेवा सुरू करतले. प्रधानमंत्री हे वेळारएका भौशीक बसकेंक मार्गदर्शन करतले.सांजवेळार प्रधानमंत्री गुवाहाटींतल्या 150 मेगावट कोपिली जलविद्युत प्रकल्पाचें उक्तावण करतले.

लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हाणी म्हंटला कि आपणे सदाच सभाघराचे कामकाज निष्पक्षपणान शिस्तन संतुलितपणान आनी नेमा प्रमाण चलचें हे खातीर सदांच यत्न केल्यात.

सभाघराचो मान, शिश्टाचार आनी प्रतिश्ठा सातत्यान तिगोवन दवरपाचो आनी सगळ्या वांगड्यांक फावो ती संद दिवपाचो आपूण सदांच यत्न करतां अशें लोकसभा अध्यक्षान सांगलें.

५५

भारतीय रेल्वेन सुरक्षीतताय आनी कार्यक्षमताय वाडोवपा खातीर अत्याधुनीक एआय आनी मशीन लर्निंग साधनांचो वापर करून स्मार्ट मॉनिटरिंग आपणायलां अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. धुकें आनी प्रतिकूल हवामानांत लोको पायलटांक बरी दृश्टी मेळची म्हूण त्रि-नेत्र प्रणाली तयार करतात अशें तांणी सांगलें. ट्रॅकांची पुराय तपासणी आनी देखरेख करपा खातीर एकत्रीत ट्रॅक निरिक्षण प्रणाली वापरल्या अशेंताणी मुखार सांगलें.

हवामान३५

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां गुजरातांत उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला. तशेच अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालयांत व्हड पावस पडपाची शक्यताय आसा जाल्यार उदेंत आनी ईशान्य भारतांत फुडल्या दोन दिसांत दोन ते तीन अंश सेल्सियस तापमान वाडपाची शक्यताय आसा.

खेळ 20

स्वित्झर्लंड ओपन बॅडमिंटन सर्तींत आयज दादल्यांच्या एकोट्या सर्तीच्या प्री-क्वार्टर फायनलींत भारताचो किरण जॉर्ज हांग्कॉंगचो जेसन गुनवान आड खेळटलो .

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे फुडले तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर -